Akashwani Panaji Regional news 7.25 am 15 March 2025

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज आसामांत साबार उदरगत प्रकल्प चाळीक लाइतले. काल सांजवेळार ते गोलाघाटाक पावलो. गोलाघाट जिल्ह्यांतल्या डेरगांवांत मुखेलमंत्री हिमंत विश्व सर्मा आनी केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांच्या हाजिरेंत मंत्री शाह अत्याधुनीक लचित बारफुकन पुलीस अकादेमीचें उक्तावण करतले आनी पुलीस अकादेमीच्या घरां बांदपाच्या प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसईतले. आयज दनपारां घरमंत्री मिझोरामाक भेट दिवन आसाम रायफल्स बेस aizwal शाराच्या ज़ोखावसांगांत स्थलांतरीत करपा संबंदीत कार्यावळींत वांटो घेतलो. केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांची ही भेट व्हड म्हत्व आनी इतिहासीक थारतली. आसाम रायफल्सचें स्थलांतर कार्य घरमंत्री अमित शाह हांच्या हाजिरेंत जावपाचें आशिल्ल्यान तीन दशकां उपरांत मिझोरामांत इतिहासाचो एक नवो अध्याय घडटलो. फाल्यां कोकराझार जिल्ह्यांतल्या दोतमा हांगा जावपी ऑल बोडो विद्यार्थी संघटनेचे 57वे वर्सुकी परिशदेंत शाह मार्गदर्शन करतले आनी उपरांत, ईशान्य राज्यांतल्या आठ ईशान्य राज्यांच्या मुखेलमंत्र्यां वांगडा गुवाहाटींत ईशान्य राज्यांतल्या नव्या गुन्यांवकारी कायद्याची अंमलबजावणी करपाचो नियाळ घेतले.

---

शेतीच्या येवजणे खातीर कृशी कार्डाची सक्ती आसची न्हय. तशेंच काजू खातीरचें आधारभूत मोल 200 रूपया मेरेन वाडोवचें, अशी मागणी गोवा बागायतदार सहकारी सं्स्थेन मुखेलमं्त्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन केल्या. अर्थसंकल्पपूर्व बसकेत ही मागणी जाली.

गोवा बागायतदार सहकारी सं्स्थेचे अध्यक्ष अॅड. नरें्द्र सावयकार हांणी ही म्हायती दिली. शेतकार तशेंच बागायतदारां्चें प्रतिनिधीत्व करपी गोवा बागायतदार ही राज्यांतली सगळ्यात व्हड सं्स्था आसा. गोवा बागायतदार सं्स्थेच्या वां्गड्यां् कडेन मुखेलमं्त्री डॉ. प्रमोद सावंत हां्णी चर्चा केली. शेतकार तशेंच बागायतदारां्च्या हिता खातीर तरेकवार मागण्यो वां्गड्यां्नी केल्यो.

अर्थसंकल्पांत हे विशीं तजवीज करपाची मागणी जाली.कागदपत्रां नाशिल्ल्या कारणान बऱ्याच शेतकारां कडेन कृशी कार्ड ना. शेतीच्या येवजणे खातीर कृशी कार्ड सक्तीचें आशिल्ल्यान कांय शेतकारांक लाव घेवप शक्य जाय ना. येवजणें खातीर कृशी कार्डाची सक्ती करची न्हय. हेर कागदपत्रां मान्य करची, अशी मागणी जाली. काजू खातीर आधारभूत मोल 200 रूपया मेरेन वाडोवचें. तशेंच सेंद्रीय काजू खातीर आधारभूत मोल 250 रुपया मेरेन वाडोवचें. गोवा बागायतदार संस्थेन अर्थसंकल्पी तजवीज तशेंच मागण्यांचे निवेदन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांकां सादर केलां.

---

थळावे हितसंबंद आनी पर्यावरणाची राखण करपाचेर लक्ष केंद्रीत करून गोंय सयत देशभर खणकाम सुलभ करपाक भारत सरकार वावुरता. खणकामाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांनी उदरनिर्वाहाची संद दिवप आनी जिणेचो दर्जो सुदारप सयत टिकावू खण पद्दतींक चालना दिवप हो ह्या यत्नांत आसा.आशे केंद्रीय खण मंत्री जी. किशन रेड्डी हांणी आयज सांखळींतल्या वर्डी हांगाच्या वेदांत खण स्थळाक आनी सुर्ला खण स्थळाक राज्यसभा वांगडी सदानंद शेत तनावाडे हांचे वांगडा भेट दिली तेंना पत्राकरांक सांगले अर्थीक वाड आनी पर्यावरण संरक्षण हांचे मदीं समतोल दवरप हो सरकाराचो हेत आसा अशें तांणी सांगलें.

---

लावडस्पीकर लावपाचे आसल्यार कार्यावळीच्या सप्तका आदीं खाजगी कार्यावळी खातीर 3 ते 5 हजार रुपया परवानो शुल्क भरचें पडटलें. पर्यावरण आनी हवामान बदल संचालनालयान शुल्क निश्चित करपी अधिसुचोवणी जारी केल्या. वेवसायीक कार्यावळी खातीर एक सप्तका आदींच ऑनलायन अर्ज केल्यार 15 ते 21 हजार रुपया मेरेन शुल्क भरचें पडटलें. सरकारी, धर्मीक, पारंपरीक आनी खेळां कार्यावळीतल्या लाउडस्पीकरां खातीर शुल्क घेवचे नात.खाजगी कार्यावळीं खातीर 7 दीस आदीं अर्ज केल्यार 3 हजार रुपया, आनी 3 ते 7 दीस आदीं 4 हजार रुपया जाल्यार कार्यावळीच्या 3 दीस आदीं 5 हजार रुपया शुल्क आकारतले. वेवसायीक कार्यावळी खातीर 7 दीस आदीं अर्ज केल्यार 15 हजार रुपया शुल्क भरचें पडटलें.

**3 ते 7 दिसां मर्दीं 18 हजार रुपया आनी 3 दीस आदीं अर्ज केल्यार 21 हजार रुपया शुल्क भरचें पडटलें. बार, रेस्टॉरंट, क्लब आनी हेरांनी 3 वर्सां मेरेन संगीत/लावडस्पीकराचे परवाने घेतल्यात तांकां हे दर लागू जावचे नात.**